**<u>राजा राममोहन रॉय हांच्या जयंती निमतान  महिला सशक्तिकरण जागृताय  रॅली</u>**

ता. 4 ऑक्टोबर  2022

राजा राममोहन रॉय हांच्या 250 व्या  जयंती निमतान ता. 6 ऑक्टोबर 2022 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर गोंय राज्य केंद्रीय वाचनालय, कला आनी संस्कृती संचालनालय आनी राजा राममोहन रॉय संस्था, कोलकाता हांच्या जोड पालवान   महिला सशक्तिकरण जागृताय  रॅलीचे आयोजन केला. ह्या रॅलीत उत्तर गोंयांतल्या पाच शाळांतले सुमार 250 विद्यार्थी आनी  केंद्रीय वाचनालयाच्यो महिला कर्मचारी  भाग घेतल्यो.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आसतले. तशेंच कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. सगुण वेळीप, उपसंचालक अशोक परब, क्युरेटर श्रीमती सुलक्षा कोळमूळे आनी लेखा खात्याचे उपसंचालक सर्वोत्तम सातार्डेकर कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/609

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji